Akashvani Panaji National news @8.40 am 10th January 2025

Pm 106

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन तीन दिसांच्या गुजरात भोंवडेर आसतले . ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री सोमनाथ स्वाभिमान पर्व सयत जायत्या कार्यावळींक हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच राजकोट, अहमदाबाद आनी गांधीनगरांतल्या मुखेल उदरगत कार्यावळींनी ते वाटेकर जातले . सोमनाथ देवळाचो चार दिसांचो सोमनाथ स्वाभिमान पर्व, आयतारा गिर सोमनाथ जिल्ह्यांतल्या दर्यादेगेवेल्या वेरावाल शारांत सुरू जालो. १०२६ वर्सा गाझनीच्या महमूदान सोमनाथ देवळाचेर पयलेच खेपे हल्लो केल्या उपरांत ह्या घडणुकेक हजार वर्सां जालीं. प्रधानमंत्री आयज सांजवेळा सोमनाथ पावतले आनी सोमनाथ देवळांत ओंकार मंत्र जपांत वांटो घेतले. देवळांत ड्रोन शोय आसतलो. शेंकड्यांनी वर्सां सोमनाथ देवळाची राखण करतना आपलो जीव ओपिल्या कीतल्याशाच झुजाऱ्यांचो भोवमान करपा खातीर आयोजीत केल्ल्या शौर्ययात्रेंत प्रधानमंत्री वांटेकार जातले .

Budget 86

संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखे सावन सुरू जातलें आनी तें 2 एप्रील मेरेन चालू आसतलें. सोशल मिडिया पोस्टांत संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी , अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो पांवडो 13 फेब्रुवारीक सोंपता अशे सांगले . 9 मार्चाक संवसादीचे दुसरें सत्र परतून सुरु जातलें अशें तांणी सांगलें. अर्थपूर्ण वादविवाद आनी लोक केंद्रीत शासनाचे दिकेन हें एक म्हत्वाचें पावल आसा अशें रिजिजू हांणी सांगलें. केंद्र सरकाराचे शिफारशी प्रमाण राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 2026 खातीर संसदेच्या दोनूय सभाघरांक आपोवपाक मान्यताय दिल्या अशी म्हायती मंत्रीमंडळान दिली.

Vp 160

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी , भारत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला 2047 मेरेनविकसित भारत जावपाच्या प्रवासाचे दिकेन आसा अशे तांणी म्हणला . राष्ट्रान एक विकसीत, आत्मनिर्भर भारत उबारपाचें महत्वाकांक्षी लक्ष्य थारायलां. काल पंजाबांतल्या जालंधर लागसार फागवारा हांगाच्या लव्हली प्रोफेशनल युनिव्हर्सिटीच्या दीक्षांत सुवाळ्यांत उप्राष्ट्र्पती राधाकृष्णन उलयताले. उपराष्ट्रपती हांणी , भारत एक जागतीक महाशक्त जावपा खातीर वावुरता अशे तांणी सांगलें . आमी सगळेच समान आनी मनीसपणाची सेवा करपाक वावुरपाक जाय अशें तांणी मुखार सांगले.घुंवळी वखदांचो दुरुपयोग वाडत आशिल्ल्या धोक्याचेर उलयतना तांणी ह्या मुद्द्याचेर गंभीरताय उक्तायली . विद्यार्थ्यांनी फकत घुंवळी वखदांक ना म्हणचें न्हय तर आपल्या इश्टांक ह्या धोक्यांत घालचे न्हय असो उलो तांणी मारला . हाचे आदीं विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करतना पंजाबाचे राज्यपाल गुलाब चंद कटारिया हांणी , शिक्षणीक संस्था विद्यार्थ्यांक दर्जेदार गिन्यान दिताच पूण तांची एकंदर उदरगतीक पोसवण दिवन देशाचे जबाबदार नागरिक जावपाक तयार करता अशे तांणी नदरेक हाडलें . ह्या कार्याक खाशेली सोयरे म्हूणुन उप्राष्ट्र्पती राधाकृष्णन आनी ब्रिटनाच्यो आदल्यो प्रधानमंत्री मेरी एलिझाबेथ ट्रस हांणी विद्यार्थ्यांक पदवी भेटयली.

pragati

सक्रीय शासन आनी वेळार अंमलबजावणी करपा खातीर प्रधानमंत्र्याचो मुखेल मंच प्रगती 50वे बसकेक येसस्वीपणान घडोवन हाडून म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारला. 2015 वर्सा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुरू केल्या उपरांत प्रगती हांणी थेट प्रधानमंत्र्याच्या नियाळा वरवीं मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचेर आनी भौशीक कागाळींचेर रियल टाईम निरिक्षण आनी निराकरण सक्षम करून शासनांत बदल केला. प्लॅटफॉर्म सहकारी संघराज्याचें उदाहरण दिता, केंद्र, राज्यां आनी केंद्रीय मंत्रालयांक एकाच डिजिटल संवादाचेर एकठांय हाडटा. एक दशका भितर प्रगतीन निर्णय घेवपाक गती दिवपाक, मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांत कळाव जावपी प्रस्न सोडोवपाक मदत केल्या आनी जापसालदारकेची घटमूट संस्कृताय रुजल्या. आयज हे खाशेले माळेंत आमी प्रगती यंत्रणे खाला नियाळ केल्ल्या वीज क्षेत्राच्या प्रकल्पांचेर एक नदर मारतात.

Sindoor 95

ऑपरेशन सिंदूर उपरांत पाकिस्तानान  लश्करी आनी घटनात्मक पुनर्रचना केल्ली ही संघर्शाच्या काळांत उक्ती जाल्ल्या गंभीर उणावांची मान्यताय आशिल्ली अशें संरक्षण मुखेल कर्मचारी जनरल अनिल चौहान हांणी सांगलां. जनरल चौहान काल पुणे भौशीक धोरण महोत्सवांत उलयताले. तंत्रगिन्यान आनी राश्ट्रीय सुरक्षा हांचेर मार्गदर्शन करतना तांणी एप्रीलांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत फाटल्या वर्सा मे म्हयन्यांत सुरू जाल्ल्या ऑपरेशन सिंदूराक लागून पाकिस्तानक  घटनात्मक दुरुस्त्यो करच्यो पडल्यो अशे सांगले  . ऑपरेशन सिंदूर

फकत विरामाचेर आसा अशें जनरल चौहान हांणी सांगलें. पाकिस्तानाच्या संविधानाच्या कलम 243 च्या दुरुस्तीक लागून त्या देशाच्या उच्च संरक्षण संघटनेंत म्हत्वाचे बदल जाल्यात अशें तांणी नद्रेक हाडलें .

Railway 125 2047 मेरेन भारताच्या विकसीत राष्ट्र जावपाच्या प्रवासांत जागतीक मापदंड थारावपाक आनी मुखेल भुमिका साकारपाक  भारतीय रेल्वे बरी स्थितींत आसा अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां.मंत्री वैष्णव 70 वें अति विशिष्ठ रेल्वे सेवा पुरस्कार 2025 100 रेल्वे अधिकाऱ्यांक भेटयले उपरांत आनी 26 ढाल भेटोवन आनी उत्कृश्ट कामगिरी करपी लोकांक 26 ढाल दिवन काल नवी दिल्लींतल्या रेल्वे झोनांत उलयताले .भारतीय रेल्वेन 2026 वर्सा खातीर स नवे थाराव थारायल्यात अशें वैष्णव हांणी सांगलें, तातूंत 52 सप्तकांत पद्दतशीर सुदारणा करप, विस्वास आनी उत्पादकता वाडोवपा खातीर तंत्रगिन्यान आनी कृत्रीम बुद्धीचो वापर करप, देखरेखीचे मानक वाडोवप, सुरक्षीतताय घटमूट करप, वसाहतवादी मानसिकते पासून पयस वचप हांचो आस्पाव जाता. नव्या इनोव्हेशन पोर्टलान भारतीय रेल्वेक स्टार्टअप आनी इनोव्हेशनां कडेन जोडटले, आनी एआयचो देखरेखीच्या कामां खातीर व्हड प्रमाणांत वापर जातलो अशें तांणी मुखार सांगलें.

HP 129

हिमाचल प्रदेशांत काल सिरमौर जिल्ह्यांतल्या पयसुल्ल्या वाठारांतल्या हरिपूर धार लागसार खाजगी बशीच्या अपघातांत 14 जाणांक मरण आयलें आनी 33 जाण जखमी जाले. ही बस सोलन सावन हरिपूर धार वताली. जखमींक उपचारा खातीर आयजीएमसी शिमला कडेन धाडल्यात.मुखेलमंत्री सुखविंदर सिंग सुखू हांणी सिरमौर जिल्लो प्रशासनाक जीव गमावीलेल्या  आनी जखमी प्रवाशांच्या कुटुंबांक शक्य तितली मजत दिवची आनी

शक्य तितली बरी वैजकी उपचाराची खात्री करची अशें निर्देश दिल्यात. सिरमौरांत बस अपघाताक लागून लोकांक मरण आयिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू , उप्राष्ट्र्पती सी पी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां. प्रधानमंत्री मोदी हाणी बळी पडपी लोकां खातीर एक्स ग्रेटियाची घोशणा केल्या. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री हांणी, प्रधानमंत्री राष्ट्रीय मजत निधींतल्यान दरेका जीव गमाविलेल्या मनशाच्या लागींच्या नात्यांतल्या लोकांक दोन लाख रुपया एक्स ग्रेटिया दितले आनी जखमींक 50 हजार रुपया दितले अशी घोषणा केल्या .

Trade 62

काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय वेपारी कल्याण मंडळाची आठवी बसका मंडळाचे अध्यक्ष सुनील जे सिंघी हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. देशी उद्देगांक चालना दिवपा खातीर आनी थळाव्या उत्पादनांक चालना दिवपा खातीर व्हॉकल फॉर लोकल उपक्रमाचें म्हत्व मंडळान दिल्ल्याचें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलें. हे बसकेंत उलोवप करतना उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार खात्याचे संयुक्त सचीव संजीव हांणी भारतीय अर्थवेवस्थेंत किरकोळ वेपार क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका उक्तायली.

Viksit 138

विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2026 ची दुसरी आवृत्ती काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत सुरू जाली. ह्या सभेक मार्गदर्शन करतना केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां राज्यमंत्री रक्षा निखिल खडसे हांणी सांगलें, राष्ट्र निर्मिती खातीर तरणाट्यांचो सक्रीय वांटो आसचो पडटा, जाचे विचार, उर्जा आनी फुडारपण फुडल्या 25 वर्सांत देशाक आकार दितले. राश्ट्रीय वचनबद्धताय आनी देशभक्तीची भावना वाडोवपा खातीर चडांत चड सहभागाक प्रोत्साहन दिवन तरणाट्या नागरिकांक म्हाविद्यालयांनी आनी जिल्ह्यांनी ही कल्पना मुखार व्हरची अशें तिणें सांगलें. विकसित भारत तरणाटे फुडारी संवाद 2026 तरणाट्यां मदीं फुडारपण, नवनिर्माण, आनी नागरी जापसालदारकी पोसपाची सरकाराची वचनबद्धताय बळकट करता, फुडल्या वर्सां खातीर स्पश्ट दिका थारायता.